Akashvani Panaji Regional Bulletin 14 march 2025

भारतीय संविधानाचे मुखेल शिल्पकार dr भीमराओ आंबेडकर हांच्या 134व्या जयंती निमतान आयज पुराय देश तांका आरगा ओपता . ह्या निमतान देशभरांत खुबशयो कार्यावळी आयोजीत केल्यात. राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, मंत्री, संसद सदस्य आनी हेर मानेस्त आयज सकाळीं संसद घर संकुलांतल्या बाबासाहेबाच्या पुतळ्याचेर फुला ओपुन तांक आरगा ओपतले .dr भीमराव आंबेडकर हाणी समाजसुदारक, अर्थशास्त्रज्ञ, राजकारणी जावन, लोकांखातीर आपलें जिवीत औंपून जायते उपक्रम केले . बाबासाहेब आंबेडकर हाणी समाजांतल्यान कुशीक काडिल्ल्या वर्गांआड समाजीक आनी जातीभेद सोंपवपाखातीर आयुश्यभर खर वावर केलो. सुरवाती सावन ते स्वतंत्र भारताचे पयले कायदो आनी न्याय मंत्री जाले.

---

भलायकी फाट्यात येत्या वर्सांत 5 ते 7 हजार नोकऱ्यो तयार जातल्यो. साधनसुविधा तशेच आवश्यक ते तंत्रज्ञान हाडून सरकार गोंयच्या जनतेक सर्वोत्कृश्ट भलायकी सेवा दिवपाक कटीबद्ध आसा, अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.तिसवाडी - खोर्ली हांगा भलायकी शिबीराच्या उक्तावणाक ते उलयताले. हे वेळार थळावे आमदार राजेश फळदेसाय, खोर्लीचे सरपंच, पंच तशेच दोतोरांची हाजेरी आशिल्ली. दोतोर, नर्सी हांचो उणाव पयस करपासयत हॉस्पिटलांनी सुविधा उबारपाचो वावर सुरू आसा. पंच तशेच सरपंचांनी आमदार राजेश फळदेसाय हांचेमार्फत मागण्यो मझेकडेन मांडच्यो. त्यो पुराय जातल्यो, अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें. पोरणे गोंय चर्च वाठारात हे फुडें 200 मीटराचो बफर झोन आसतलो. हाका लागून हे फुडें चर्च वाठारात बांदकाम जावचे ना, अशें मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें. दिवाडी आनी कुंभारजुवें हांगा 10 खाटींचे हॉस्पिटल सुरू करपाची मागणी आमदार राजेश फळदेसाय हांणी केली.

---

गोंय भाजयेच्या बाबतीन आता स्वयंपुर्ण जावपाक लागला. हरशी महाराष्ट्र आनी कर्नाटकातल्यान गोंयांत भाजयाचो पुरवठो जातालो. मात आता भाजयाची आयात करप 25 टक्यांनी देवला अशी म्हायती गोंय फलोत्पादन म्हामंडळाकडल्यान मेळ्ळया.वालपापडी, तवशी,कोबी,पडवळ, भेंणे,वांयगी,तशेंच हीरवी मिरीचीची पिकावळ गोंय राज्यात बऱ्या प्रमाणात जाता अशी म्हायती ह्यावेळार मेळ्ळया. जाल्यार सुमार 200 शेतकार परत शेता रोवपाक लागल्यात.फुडारात मस्काच्यो शेंग्यो, तशेंच सुरण ह्या भाजयांची पिकावळ वाडोवपाच्य नदरेतल्यान गोंय फलोत्पादन म्हामंडळ आनी शेतकी खाते जोडपालवान काम करता. इतले मजगती सध्या गावठी भाजयांक लेगीत बाजारात डीमाण्ड आता. तांबडी भाजी, हरसाण्याचो पालो, गावठी भेणए,

भाजयेची केळी, दुदी,चिटकी, नाब ह्या भाजयांक सध्या वाढील्ली मागणी बाजारात दिश्टी पडटा. गोंयांक भाजयांच्य बाबतीन स्वयंपुर्ण करपाखातीर सराकरान वेगेवगळ्यो उपक्रम तशेंच येवजण्यो चालीक लायल्या. तशेचं तरणाटयांनी शेतकी मळार फुडे सरचे हातुल्यान बरो वेवसाय करुन मिळकच मेळुं येता , ताका लागुन शेतकी मळाक सरकार उर्बा दिता.

---

विज खात्याच्या पालवान राज्यांत १८ सरकारी शाळा, पांच केंद्रीय विद्यालयां, आनी दोन जवाहर नवोदय विद्यालयांचें आदर्श उर्जा-कुशळटाय शाळांनी रुपांतर केलां अशी म्हायती ह्या खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी दिल्या. पारंपरीक बल्ब, ट्यूब लायटी आनी फॅन बदलून एलईडी बल्ब, ट्यूब लायटी घालून राज्य सरकारच्या एजन्सीन ही मोख पुराय केल्या. ऊर्जा संवर्धनाचेर लक्ष केंद्रीत करून वीज खात्याच्या एजन्सीन सरकारी तशेंच अनुदानीत शाळांनी ऊर्जा क्लब स्थापन केल्यात. हे क्लब विद्यार्थ्यांक उर्जा वाटोवपाक आनी तिची जतनाय घेवपा खातीर उर्जा कार्यक्षमताय चळवळींत वांटो घेवपाक उर्बा दिता.

---

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात मुंबई इंडियन्स पंगडान दिल्ली कॅपिटल्स पंगडाक १२ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना मुंबई इंडियन्स पंगडान निर्धारित २० षटकांत पाच बाद २०५ धावंड्यो केल्ल्यो. उपरात, दिल्ली कॅपिटल्स पंगडाचो डाव १९३ धावंड्यांचेरुच सोपलो.

---

पणजी वेधशाळेन नोंद केलल्या प्रमाण गोयांत फुडल्या 5 दिसांत उत्तर आनी दक्षिण गोंयात दमट आनी उष्ण वातावरण आसू येता . गोयात चडाण चड तापमान 35 अंश सेलसीयउस जालयार कमीत कमी 26 अंश सेलसीयउस आस अशे नोंद केला.

---